राजश्री कामत  प्रादेशिक खबरो  २४.०३.२०२६ @ 7.20 pm

पंचायतींतल्यान मेळपी येणावळीच्या मळार गोंय देशांतलें सर्वोत्तम कामगिरी करपी राज्य म्हणून उदेलां अशे प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरोन जाहीर केल्ल्या “स्वस्रोत महसुलाचे मूल्यांकन” ह्या अहवालांत म्हणला

वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक १५० वर्सा पुराय जावपाच्या इतीहासीक खिणा निमतान फाल्यां २५ मार्चाक सरकारी कार्यालयां तशेंच शिक्षणीक संस्थांनी परतून वंदे मातरमचे सामुहीक गायन जातलें.

नुस्तेमारी आनी पशुपालन मंत्री नीलकंठ हळर्णकर हांणी हालींच बार्देशातलो आदर्श गांव कोलवाळे हांगा ‘मिशन रेबीज मॉडेल व्हिलेज प्रकल्पा'चे उक्तावण केलां

छत्तीसगढात जावपी पयल्या खेलो इंडिया आदिवासी खेळा सर्तीत गोयचे ६२ खेळगडे भाग घेतले

महेश

पंचायतींतल्यान मेळपी येणावळीच्या मळार गोंय देशांतलें सर्वोत्तम कामगिरी करपी राज्य म्हणून उदेलां.प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरोन जाहीर केल्ल्या “स्वस्रोत महसुलाचे मूल्यांकन” ह्या अहवालांत ग्रामीण थळाव्या प्रशासनांत गोंयच्या दमदार कामगिरीचेर भर दिला. अहवाला प्रमाण पंचायतीं कडल्यान मेळिल्ल्या दर मनशाक स्वस्रोत येणावळींत गोंय देशांत अग्रस्थानार आसा. जाल्यार राष्ट्रीय वर्सुकी प्रति व्यक्ती सुमार ५९ रुपये असताना, गोयचो दरडोई स्वस्रोत महसूल १,६३५ रुपये इतलो चड आसा.पंचायतीच्या   पांवड्यार अर्थीक

आत्मनिर्भरताय सुदारपा खातीर गोंयचें महसूल निर्मिती मॉडेल हेर राज्यां खातीर आदर्श मानतात अशें अहवालांत म्हणलां. हे निष्कर्ष स्थानिक संसाधणा एकठाय हाडपाक आणि तळागाळातले  प्रशासन घटमूट करपाक राज्याची कार्यक्षमता अधोरेखित करता.

रश्मी १६०

गोंयांत सध्या काजुचो परमळ आनी घमघम तुमका गांवगिऱ्या वाठारांनी पळोवपाक  मेळटा. गोंयची फेणी, हूर्राक  तशेच  निरो ह्या दिसातले गोयकरांचे आवडटे पेय. कोणाक हूर्राक, फेणी आवडटा जाल्यार कोणाक  निरो, गोंयांत आयिल्ले पर्यटक लेगीत गोंयची फेणी पिवपाक पयले प्राधान्य दिता. तर अशा ह्या काजुच्य हंगामान सध्या गोंयात नेट धरल्ला. सध्या ३५ लिटर  हूर्रकाचे मोल ३ हजार रुपया जाल्यार  ३५ लिटर  फेणीचे मोल चार हजार रुपया,जाल्यार एक लिटर निरो 100-150 रूपया  इतलो आसा. काजुच्यो बियो १७० रुपया किल ह्य प्रमाण आसा. हे शिवाय काजुची फोका म्हणल्यारुच बीबे हे  सध्या बिया भाजी आनी बियांच्या तोणाखाखातीर  बऱ्या मागणेत आसा. ५०० रुपयांक १०० फोका ह्या प्रमाण सध्या बाजारात  विकतत. काजुच्या ह्या  हूर्राकाचे आनी फेणयचे प्री बुकींग  बार्र वेवसायिक, तशेचं  हे पेय आवडपी नागरीक  करतात. काजुची मलमी सुरु जातकच  भुरगे लेगीत  निरो पिवपाक  भाटयेचेर येतातय काजुची शेती करप आता काळाप्रमाण म्हारग जाला. मात  पयली पासुन आमच्य जाणट्यांनी ही काजुची पिकावळ घेवंन ही परंपरा आमचेकडेन सोपयिल्लयान आम्ही  काजुचे पीक घेता अशी म्हायती आमका  पार्शेचे काजुचे शेतकार  प्रकाश साळगांवकार हांणी दिली.

रश्मी 120

वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक १५० वर्सा पुराय जावपाच्या इतीहासीक खिणा निमतान फाल्यां २५ मार्चाक सरकारी कार्यालयां तशेंच शिक्षणीक संस्थांनी परतून वंदे मातरमचे सामुहीक गायन जातलें. सरकारी कार्यालयां, शिक्षणीक संस्था, पंचायती, नगरपालिकां

सयत भौशीक थळांचेर २५ मार्चाक सकाळी १०.१५ मिनटाचेर वंदे मातरमचें गायन करचें असो आदेश सर्वसादारण प्रशासन फाट्यान जारी केला. बंकीमचंद्र चटर्जी हांच्या वंदे मातरम गीताक १५० वर्सां पुराय जातात. ह्या निमतान ७ नोव्हेंबर २०२५ ते ७ डिसेंबर २०२६ मेरेन वर्सभर कार्यावळी करपाचो निर्णय केंद्र सरकारान घेतला. कार्यावळींचे पयले दोन पावंडे जाल्या उपरांत आतां २३ मार्च ते ३० मार्च २०२६ मेरेन तिसरो पावंडो जातलो. शहीद दिसा निमतान परत वंदे मातरमचे सामुहीक गायन करपाचे आदेश केंद्रान दिल्यात. हाका लागून फाल्यां २५ तारखेक सरकारी कार्यालयां आनी  शिक्षणीक संस्थांनी वंदे मातरमचें सामुहीक गायन जातलें.

प्रसाद

ऑल गोवा टॅक्स प्रॅक्टीशनर्स असोसिएशनान विद्यार्थ्यांक  प्रशिक्षण दिवपा खातीर स्वामी विवेकानंद युनिव्हर्सिटी बोर्डाच्या वाणिज्य महाविद्यालया कडेन समजीकायेची कबलात केल्या.शिक्षणीक मळार आनी उद्देगा मदलो फरक पयस करपा खातीर म्हत्वाचें पावल उबारून ऑल-गोवा टॅक्स प्रॅक्टिशनर्स असोसिएशनान स्वामी विवेकानंद युनिव्हर्सिटी बोर्डाच्या कॉलेज ऑफ कॉमर्स, फोंडा कडेन 23 मार्च क समजीकायेची कबलात केल्या. ऑल गोवा टेक्स प्रॅक्टीशनर्स असोसिएशनाचे अध्यक्ष श्रीपाद परब, इंटर्नशिप फॅसिलिटेटर राजेंद्र नर्वेकर आनी गुरुनाथ पाटडा हांचे वांगडा इंटर्नशिप आनी कोचिंग सुवीधा दितले. इंटर्नशिप सुविधा उपलब्ध आशिल्ल्याचेर आनी म्हाविद्यालयांतल्या इत्सूक विद्यार्थ्यांच्या संख्येचेर आदारून इंटर्नशिपा खातीर विद्यार्थ्यांचो आंकडो वेगळो आसूं येता, जी सत्र सोंपपाच्या मुल्यांकन परिक्षे उपरांत रोखडीच सुरू जातली. इंटर्नशिप काळांत सहभागी विद्यार्थ्यांनी शिस्त, वेळ पाळप आनी वेवसायीक आचरण सुनिश्चीत करपा खातीर योग्य यंत्रणा स्थापन करपाचें दोनूय वटांनी मान्य केलां.

हे भागीदारींतल्यान कर, लेखा आनी वाणिज्य ह्या वेव्हारीक तासा  कडेन मोलादीक हाताळणी संपर्क मेळटलो,जाका लागून तांची रोजगार क्षमता आनी वेवसायीक कुशळटाय वाडटली अशी अपेक्षा आसा.

रश्मी

कुडचडयाक जाल्या सेक्स स्केण्डल विंशी चलयांच्या सुरक्षिततायचो  प्रस्न उप्रासला. गोंय  बायला आयोगान तशेचं गोंय भुरग्याचे आयोगान हे विशी स्वेच्छा दखल घेवन कारवाय करप गरजेचे आसा असे गोंय कॉंग्रेस बायला मोर्चा अध्यक्ष  प्रतिक्षा खलप हांणी म्हणला. बेटी बचाव बेटी पढाव येवजण कागदार, प्रत्यक्ष हे विशी राज्यान गंभीरताय ना असो आरोप ताणी केला. ह्यावेळार बायला आयोगाक अध्यक्ष ना अशे ताणी नदरेक हाडुन दिले. असा परीस्थितीत गोंयच्य पीडीत बायलांक न्याय कसो मेळटलो असो प्रस्न ताणी केला. संबंधित सेक्स स्केण्डलांची बायला आयोगान दखल घेंवन, चवकशी करुन आनी गुन्हयावाकार  तरणाटयाचेंर खर कारवाय करची , हे खातीर आयोगान खासा चवकशी अधिकारी नेमची अशी मागणी करपी निवेदन प्रतिक्षा खलप हाणी केला. Byte- बायलांखातीर हेल्पलायन, जागृताय कार्यावळी शैक्षणिक आस्थापनांनी, पालकांखातीर जागृताय, करप अशी मागणी ह्या निवेदनात कॉंग्रेसीन केला.  इतले मजगती आम आदमी पक्षाचे मुखेली अरविंद केजरीवाल हांणी ह्या प्रकरणात घुसपल्लया तरणाटयाचेंर कडक कारवाय जावची अशी मागणी केल्या. सेक्स सेक्ण्डलाविंशीच्या  प्रकरणाची चवकशी कुडचे पुलिसांनी आता क्रायम ब्रांचीकडेन सोपयला.

DIP

नुस्तेमारी आनी पशुपालन मंत्री नीलकंठ हळर्णकर हांणी हालींच बार्देशातलो आदर्श गांव कोलवाळे हांगा ‘मिशन रेबीज मॉडेल व्हिलेज प्रकल्पा'चे उक्तावण केलां. रेबीज प्रतिबंध आणि प्राणी कल्याणा खातीर  एक अनुकरणीय, समुदाय-फुडारपणा खाला , मानवी आणि वैज्ञानिक दृष्टिकोन प्रदर्शित करपाच्या उद्देशान 'मिशन रेबीज आदर्श गाव प्रकल्पा'ची रचना केल्या. वेचीक गावांक रेबीज-सुरक्षित, प्राणी-स्नेही समुदायांमदि रूपांतरित करून, या प्रकल्पाचे उद्दिष्ट विस्तारक्षम उपक्रम तयार करप आसा. आतां उत्तर गोंयांतल्या कोलवाळे पंचायत आनी दक्षिण गोंयांतल्या वेली पंचायती ह्या दोन गांवांनी आदर्श गांव

प्रकल्प हातांत घेतला. ह्या प्रकल्पा खाला मिशन रेबीज आनी पशुपालन आनी पशुवैजकी सेवा संचालनालय, गोंय वेवस्थापन संस्थेच्या सहकार्यान दारांन दार सर्वेक्षण करतले. ताचे उपरांत कुत्र्यांचे लसीकरण, कुत्र्यांचे निर्बीजीकरण, रेबीजचेर देखरेख, सुणो चावल्यार किते करचे याबद्दल भूर्ग्यांचे आणि समाजाचे शिक्षण, तसेच सुण्यांची भलायकी जतनाय घेवप अशे उपक्रम जातले. प्रकल्पाचो काळ 23 मार्च 2026 ते 05 एप्रिल 2026 मेरेन – घरोघर सर्वेक्षण आनी शिक्षण, उपरांत लस दिवप, ताचे शिक्षण, कुत्र्यांचे निर्बीजीकरण, देखरेख 31 मार्च 2029 मेरेन चलतले.

महेश

भारतांतल्या आदिवासी हस्तकलेच्या विविधतायेची परब मनोवपा खातीर आंतरराश्ट्रीय केंद्र, दोनापावल हांगा आयोजीत केल्ल्या "गांधी शिल्प बाजाराक" व्हड प्रतिसाद मेळ्ळो. या प्रदर्शनाचे आयोजन आसम स्मॉल इंडस्ट्रीज डेव्हलपमेंट कॉर्पोरेशन (ASIDC)न वस्त्रोद्योग मंत्रालयाच्या हस्तकला विकास आयुक्त कार्यालयाच्या सहकार्यान राष्ट्रीय हस्तकला विकास कार्यक्रम (NHDP) अंतर्गत हे आयोजन केल्ले. ह्या प्रदर्शनांत ईशान्य भारता सयत देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्यान आयिल्लीं "विशेष आदिवासी हस्तकला" वस्तूंचे आकर्षक प्रदर्शन केल्ले. भारताच्या गिरेस्त कला दायजाचें रंगीत प्रदर्शन हांगा दिसलें. पर्यटक आनी नागरिकां खातीर हो एक आगळोच अणभव आशिल्लो. हस्तशिल्प बाजारांत आसामी मेखला चादोर, महाराष्ट्रांतले बंजारा भरतकाम, तशेंच देशांतल्या वेगवेगळ्या राज्यांतल्या पारंपारीक हस्तकलेचीं उत्कृश्ट नमुने पळोवक मेळले. गांधी शिल्प बाजार गोंयांतल्या कला मोगींक आनी पर्यटकांक आकर्शणाचें केंद्र थारलो आनी भारतीय पारंपारीक कलेचें दायज तिगोवन दवरपाचे नदरेन हें एक म्हत्वाचें पावल आसा

महेश

फाव त्या प्रमाणात कच्चें तेल आनी पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजीची पुरवण आसा, शुध्दीकरण कारखाने पुराय क्षमतेन काम करतात आनी सगळ्यो किरकोळ विक्री केंद्रां सामान्यपणान चलतात. अफवांक लागून जावपी भयान केल्या खरेदीचेर अधिकृत स्पश्टीकरणां वरवीं उपाय काडला आनी नागरिकांक अशे  वागचे न्हय अशे सरकारान सांगला.

स्पोर्ट्स

छत्तीसगढात जावपी पयल्या खेलो इंडिया आदिवासी खेळा सर्तीत गोयचे ६२ खेळगडे भाग घेतले. सरत २५ मार्च ते 6 एप्रिल मेरेन जगदाळपूर आनी सुरगुजा हांगा जातली.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान 33.5 डिग्री  celcius आसतले जलयार किमान तापमान 25डिग्री  अंश celcius आसतले.